Panaji Regional 26th September 2025 7.25am

CM – 40

राज्यातल्यो झोपडटट्टी सोदुन तांचे पुर्नवसन करपाचो निर्णय काल जाल्ल्या मंत्रीडळाच्या बसकेत घेतला,सध्या ही policy launch केल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी काल मंत्रीमंडळाची बसका जाल्या उपरांत दील्या. ही policy जिल्होधिकारी कार्यालयातल्यान अधीसुचीत करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या.

Rashmi 100

भाजपचे सावड्डेचे आमदार गणेश गांवकार गोंय विधानसभेचे सभापती म्हणून काल वेंचून आयले. गांवकार हाणी कॉंग्रेसीचो आमदार आल्टन डिकोस्ताक हारयलो.

रमेश तवडकार हांणी मंत्रीपद स्विकारल्या उपरांत सभापतीचे पद रिते आशील्ले. सभापती पद भरपाच्या फांटभुयेर काल विधानसभेचे खाशेले अधीवेशन आपयल्ले.

गणेश गांवकर सभापती पदाक पुराय न्याय दीतले असो विस्वास ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी उक्तायलो.

जाल्यार सभापतीन पक्षपात करनासताना विरोधकांचे प्रस्न सुटावे करपाच्या नदरेतल्यान सभापती म्हण काम करचे अशे ह्वावेळार विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी म्हणला.

सुशांत 90

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या 75व्या वाडदिसाच्या निमतान देशभरांत सेवा पखवाड्याचें आयोजन सुरू आसा. ह्या उपक्रमांतल्यान काल मडगांवच्या रवींद्र भवनांत भारतीय जनता पक्षान बायलांच्या स्वयंसेवी पंगडांनी तयार केल्ल्या

जायत्या उत्पादनांचें एका दिसाचे विक्री प्रदर्शन घडोवन हाडलें. ह्या प्रदर्शनाचें उक्तावण भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत हांणी केलें. ह्या वेळार भाजपाचो प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक, मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकर, उपनगराध्यक्ष बबिता नायक आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

इतले मजगती आज सेवा पखवाड्याच्या निमतान गोंय सरकाराच्या कुशळता उदरगत आनी उद्देजकता संचालनालया वतीन मडगावच्या रवीन्द्र भवनात रोजगार मेळावो आनी प्रधानमंत्री राश्ट्रीय ॲप्रेन्टीसशिप मेळावो जावपाचो आसा

रश्मी 30

काल सकाळीं पणजे कदंबा  बस स्टँडाचेर राष्ट्रव्यापी “स्वच्छता ही सेवा - एक दिन, एक घंटा, एक साथ” ह्या मोहीमेत शार उदरगत मंत्री विश्वजीत राणे हांणी वांटो घेतलो. ह्यावेळार जागृत नागरिक, सरकिरी अधिकारी तशेंच नितळसाण कामगारांनि सामुहीक श्रमदानांत वांटो घेतलो.

Governor – 70

राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी दुर्गा पुजा उत्सवाच्या  शुभप्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्यात.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दुर्गा पुजा हो एक म्हत्वाचो उत्सव आसा.  हो उत्सव भारतभर व्हडा दबाज्यान मनोयतात. ह्या शुभप्रसंगार स्त्रीशक्ती, शूरताय आनी सद्‌गुणी मुर्तरूपी दुर्गामाता देवीची पुजा करतात. दुर्गा माता देवीन महिसासूर नावाच्या राक्षसाचेर जैत मेळोवन संवसारात शांतीकाय आनी सलोखो पुनर्स्थापीत

केलो म्हणून दुर्गा पुजा उत्सव सद्‌गुणांनी वायट शक्तीचेर मेळयिल्ल्या  जैताचे प्रतिक आसा अशे राज्यपालांनी आपल्या संदेशात म्हळां.

DIP 20

आज सर्गेस्त टी.बी. कुन्हा हांची पुण्यतिथ. सकाळच्या 11.00 वरांचेर पणजेच्या आझाद मैदानार जावपी कार्यक्रमात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत सर्गेस्त टी.बी. कुन्हा हांच्या स्मारकाचेर पुष्पचक्र ओपतलें.

Weather – 20

26 ते 29 सप्टेंबर ह्या काळांत राज्यांत मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा. ह्या चार दिसां खातीर हवामान खात्यान पावसाचो येलो अलर्ट जारी केला.

BCCI – 30

२१ सप्टेंबराक आशिया कपच्या सुपर फोर मॅची वेळार जालल्या अनुचित कृतीविशी भारतीय क्रिकेट नियामक मंडळ (बीसीसीआय)न पाकिस्तानी क्रिकेटपटू साहिबजादा फरहान आणि हरिस रौफ हांच्या आड अधिकृत रित्याकागाळ दाखल केल्या.